१९-०१-२०२६

सकाळी :८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो:

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांजे अस्तंत बंगालातल्या हुगळी जिल्ह्यात सिंगूर हांगा ८३० कोटी रुपयांपरस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण केले.

भाजपच्या राष्ट्रीय अध्यक्षपदाच्या वेचणूकेखातीर आयज उमेदवारी अर्ज करतले दाखल.

छत्तीसगडातल्या बिजापूर जिल्ह्यात जाल्ल्या फारपेटात चार बायल माओवाद्यांसयत स माओवाद्यांक मरण

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांका "शांतीकाय मंडळात" आस्पावीत जावपाखातीर आपोवणे धाडला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आपोवणेवेल्यान संयुक्त अरब अमीराताचे राष्ट्रपति शेख मोहम्मद बिन जायद अल नाहयान आयज येतले भारत भेटेर

भारत आनी न्युझीलंड पंगडामदी काल राती इंदूरात जाल्ल्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळा माळेतल्या तिसऱ्या आनी निमण्या खेळात न्यूझीलंडान भारताक ४१ धावंड्यांनी हारयले.

प्रधानमंत्री -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांजे अस्तंत बंगालातल्या हुगळी जिल्ह्यात सिंगूर हांगा ८३० कोटी रुपयांपरस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण केले. विकसित भारताच्या सपनात पूर्व भारताच्या उदरगतीक प्राधान्य दिला अशें प्रधानमंत्र्यांनी एका भौशिक सभेत उलयताना तांणी सांगले. केंद्र सरकार ह्या ध्येयाकडेन सेगित काम करीत आसा, अशेंय तांणी सांगले.  अस्तंत बंगालात मुळाव्यो सुविधा आनी जोडणी घटमूट करपाखातीर शेकड्यांणी कोटी रुपयांचे प्रकल्प राबयल्यात. देशातली पयली वंदे भारत स्लीपर ट्रेन शेनवारा अस्तंत बंगालातल्यान सुरू जाली, तर राज्यात आदीच बरेतरेन अमृत भारत एक्सप्रेस सेवा मेळता अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

काल, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांणी कोलकाता ते दिल्लीच्या आनंद विहार टर्मिनल, वाराणसी आनी तामिळनाडूतल्या तांबरमाक जोडपी आनीक तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांक पाचवो बावटो दाखयलो.बंदरा आनी भीतूरल्या उदकामार्गांकडेन संबंधित प्रकल्प राज्याक उत्पादन, वेपार हांचे केंद्र जावपाक मजत करतले तशेच रोजगार निर्माणाच्यो संद लेगित हेवरवी तयार जातल्यो, अशेंय तांणी सांगले.

प्रधानमंत्र्यांनी बालागडात विस्तारित बंदर प्रवेशद्वार प्रणालीचो बुनियादी फातर बसयलो. कोलकातात हुगळी न्हंयचे देगेर पर्यावरणाक अनुकूल शारी न्हंय येरादारी आनी पर्यटनाक चालना दिवपा खातीर प्रधानमंत्र्यानी कोलकातात अत्याधुनीक इलेक्ट्रीक  कॅटामरनचे उक्तावण केले. ह्या उपक्रमांचो शेतकार, नुस्तेमार, ल्हान वेपारी आनी येरादारीक लाव जातलो अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी हेवेळार सांगले.

भाजप राष्ट्रीय अध्यक्षपदाची वेचणूक -

भाजपच्या राष्ट्रीय अध्यक्षपदाच्या वेचणूकेखातीर आयज उमेदवारी अर्ज दाखल करतले. पक्षाचे राष्ट्रीय वेचणूक अधिकारी आनी खासदार के. लक्ष्मण हांणी जाहीर केल्ल्या वेचणूक कार्यावळीप्रमाण, दनपारा २ ते ४ मजगती उमेदवारी अर्ज दाखल करपाक मेळतले. पूराय वेचणूक प्रक्रिया नवी दिल्लीतल्या पक्षाच्या मुख्यालयात जातली. वेचणूक कार्यावळीप्रमाण, सांजे ४ ते ५ मजगती उमेदवारी अर्जांची छाननी

जातली, त्याउपरांत सांजे ६ मेरेन उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाक मेळतले. उमेदवारी प्रक्रिया पूराय जाल्याउपरांत, गरज पडल्यार, फाल्या मतदान जातले. त्याउपरांत नव्या भाजप राष्ट्रीय अध्यक्षांची अधिकृत घोषणा जातली. भाजपाच्या राष्ट्रीय परिषदेचे आनी राज्य परिषदांचे प्रतिनिधी आशिल्ल्या वेचणूक मंडळावरवी भाजपाच्या राष्ट्रीय अध्यक्षांची निवड जाता.

छत्तीसगड माओवादी -

छत्तीसगडातल्या विजापूर जिल्ह्यात जाल्ल्या फारपेटात चार बायल माओवाद्यांसयत स माओवाद्यांक मरण आयले. दिलीप बेडजा, माडवी कोसा, लाखी मडकम आनी राधा अशी ह्या फारपेटात मरण आयिल्ल्या माओवाद्यांची नावा आसा. तर दोघांची वळख आजून कळूंक ना. अधिकाऱ्यांनी पुष्टी केली की दिलीप बेडजा हो इंद्रावती राखीव आनी राष्ट्रीय उद्यान परिसरात बरोच तेपासावन सक्रिय आशिल्लो आनी राज्याआड हिंसक मोहीम राबयतालो. जिल्लो राखीव गार्ड, कोब्रा आनी खासा कार्य दळाच्या जोड पथकान केल्ल्या ह्या कारवाईक लागून हे वाठारातल्या माओवादी कारवायांक व्हड धक्को बसला. हे कारवायेत दोन एके-४७ रायफल, एक इन्सास रायफल, दोन .३०३ रायफल आनी स ग्रेनेडसय व्हड प्रमाणात शस्त्रास्त्रा लेगित जप्त केल्यात.

मुखेलमंत्री विष्णू देव साई हांणे माओवाद्यांक हिंसाचार सोडपाचे आवाहन केले. सरकार न्याय, सुरक्षा आनी सन्मानान पुनर्वसन करपाखातीर पूरायपणान वचनबद्ध आसा अशें तांणी एका सोशल मीडियावेल्या पोस्टात म्हळा.

WEF –

संवसारीक अर्थीक मंचाची 56 वी वर्सुकी बसका आयज स्वित्झर्लंडांतल्या दावोस शारांत सुरू जाता. 3 हजारां परस चड जागतीक फुडारी हाजीर आसतले. पांच दिसांच्या परिशदेंत शंबरां परस चड भारतीय सीईओ आनी सरकारी शिश्टमंडळ वांटो घेतले. अश्विनी वैष्णव, प्रल्हाद जोशी आणि के. राममोहन नायडू हांच्या संयत

वरिष्ठ केंद्रीय मंत्री उपस्थित रावपाची अपेक्षा आसा. महाराष्ट्र, आंध्र प्रदेश, मध्य प्रदेश, आसाम, झारखंड हांचे मुख्यमंत्री गुंतवणूकदारांक आपल्या-आपल्या राज्यांतल्या वेवसायीक संदीं विशीं प्रदर्शन करतले. कर्नाटक, उत्तर प्रदेश, केरळ, तेलंगणा ह्या सारक्या वेगवेगळ्या राज्य सरकारांतले मंडपय हाजीर आसतले.

PM Assam

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल आसामांतल्या नागांव जिल्ह्यांतल्या कालियाबोर हांगा स हजार 950 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या काजीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्पाची बुन्याद घाली. ८६ किलोमीटर लांबायेचो काझीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्प हो पर्यावरणाची जाणविकाय आशिल्लो राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्प. तातूंत 35 किलोमीटर उंचायेचो वन्यजीव मार्ग आसतलो जो काझीरंगा राश्ट्रीय उद्यानांतल्यान वतलो. उद्यानाच्या गिरेस्त जैवविविधतेची राखण सुनिश्चीत करतना प्रादेशिक जोडणी सुदारपाचो ह्या प्रकल्पाचो हेत आसा. काझीरंगा फकत राष्ट्रीय उद्यान न्हय तर आसामाचो जीव अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी. युनेस्कोन काझीरंगाक संवसारीक दायज स्थळ म्हूण मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सांनी काझीरंगांतल्या पर्यटकांचो आंकडो स्थिरपणान वाडत आसा अशें श्री मोदी हांणी उक्तायलें.byte

आसामांतलें भाजपा सरकार घुसखोरीचेर मात करता, रानां सांबाळटा, धर्मीक, सांस्कृतीक आनी इतिहासीक थळांची राखण करता, अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. एक पेड माँ के नाम मोहिमे खाला आतां मेरेन 260 कोटी परस चड झाडां लायल्यात अशें तांणी सांगलें.

शांतीकाय मंडळ -

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांका "शांतीकाय मंडळात" आस्पावीत जावपाखातीर आपोवणे धाडला. हे मंडळ गाझात कायमस्वरूपी शांतीकाय प्रस्थापित करपाखातीर काम करतले. भारतातले अमेरिकेचे राजदूत

सर्जियो गोर हांणी डोनाल्ड ट्रम्प हांणी हे संदर्भात प्रधानमंत्री मोदीं हांका एक बरयल्ले पत्र सोशल मीडियाचेर शेअर केला.

UAE –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणाचेर संयुक्त अरब अमीराताचे राश्ट्राध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन जायद अल नाहयान आयज भारताच्या अधिकृत भेट दितले. भारत-युएई व्यापक धोरणात्मक भागीदारी मुखार व्हरपाची आनी परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांचे आदान-प्रदान करपाची संद दोनूय फुडाऱ्यांक मेळटली अशी अपेक्षा आसा.

एनडीआरएफ -

घरमंत्री अमित शहा हांणी आयज एनडीआरएफ म्हळ्यार राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दळाच्या थापणूक दिसानिमतान परबी भेटयल्या. संकश्टावेळार एनडीआरएफ हो देशाचो आधार खांब अशें तांणी सोशल मीडिया पोस्टात म्हळा. आपत्ती-प्रतिरोधक राष्ट्र निर्माण करपाच्या सरकाराच्या संकल्पाक साकार करपाखातीर एनडीआरएफ महत्त्वाची भूमिका वठयता अशेंय घरमंत्र्यांनी सांगले. हेरांच्या सुरक्षेखातीर आपले प्राण ओपपी सगळ्या शहीदांक घरमंत्री अमित शहा हांणी आर्गां ओपली.

हवामान -

हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाबांत दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगालांतलो तराई वाठार, सिक्किम हांगाय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन हिमाचल प्रदेशांत थंड ल्हारांचोय अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या तीन दिसांत पुराय उदेंत भारतांत उण्यांत उणें तापमान सुमार 2 ते 3 अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडटलें असोय अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

क्रिकेट -

भारत आनी न्युझीलंड पंगडामदी काल राती इंदूरात जाल्ल्या एका दिसाच्या आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळा माळेतल्या तिसऱ्या आनी निमण्या खेळात न्यूझीलंडान भारताक ४१ धावंड्यांनी हारयले. पयली फलंदाजी करताना, न्युझीलंडान निर्णायक खेळात निर्धारित ५० षटकांत आठ बाद ३३७ धावंड्यो केल्ल्यो. उपरांत येजमान भारताक ४६ षटकांत फकत २९६ धावंड्योच करप शक्य जाले. विराट कोहलीन बेसबरो खेळ करताना शेकडो मारलो मात १३ षटकांत चार गडे वगडायल्या उपरांत भारताक ह्या खेळात हार खावची पडली. न्यूझीलंडान हे खेळामाळेत २-१ अशें जैत मेळयले.